

मेथये पावलां

दिलीप बोरकार

5622
P-KON
DIL

5622
Konkani Language & Cultural Foundation (R.) * Mangaluru
P. Kar

मेथये पावलां

दिलीप बोरकार

दिलीप धर्मा बोरकार (२ माय १९५७)

वर्गशत्रू, भरते-भार, आण्टीची गादी, आयज आमचें राज आयलें (नाटकां). कॅन्सर, एक शून्य प्रवास (एकांकी संग्रह). दर्यासुंदरी, अशांत सुशांत, मस्त्या गुंडूची नस्ती भोंवडी, पिन्टूची काळभोंवडी, चड आस्त धरता तो बुडटा (बालसाहित्य). रूक्षप्रस्न, बोरकारी, श्रेयार्थी (ललित). गोमाचल ते हिमाचल (प्रवास वर्णन) अश्या गद्य साहित्याची निर्मिती.

आघात, जिमलेट, रूक्षप्रस्न (नवप्रभा) प्रहार (तरूणभारत) आंबट तीख (लोकमत) बोरकारी (सुनापरान्त) सारकी वाचकांक प्रतिक्षा करूंक लावपी सदरां आनी 'बिम्ब' ह्या दर्जेदार मासिकाचें संपादन अशें पत्रकारितेंतलें कार्य.

डॉन बास्को हायस्कूल, कळंगूट. सांताक्रूज हायस्कूल, सांताक्रूज. कस्तुरबा मातोश्री हायस्कूल, पणजी आनी फा. आग्नेल कॉलेज ऑफ आर्टस् ॲन्ड कॉमर्स, पिलार हांगा विद्यादानाचें कार्य.

जाग, बिम्ब मासिकांतल्यान तीर-सुवादीक कॉलम, आयलें तशें गायलें, हायली फिलॉसाफिकल कॉलम सारकीं खुसखुशीत आनी चिंतनशील सदरां.

भरते भार (१९८२), गोमाचल ते हिमाचल (१९८५), कला अकादमी उत्कृश्ट साहित्य पुरस्कार. अखिल भारतीय नभोनाट्य पुरस्कार (१९८७, १९९१,१९९२), कोंकणी भाशा मंडळ पुरस्कार, न्यू गोवन ओवरसीज पुरस्कार (१९९६), डॉ. टी. एम्. ए. पै फाऊंडेशन पुरस्कार (१९९९), **केंद्रीय साहित्य अकादेमी पुरस्कार (१९९५),** राज्य सन्मान (२००७) आदी सन्मानान भोवमानीत.

विद्यार्थी चळवळ, युवा आंदोलन, शिक्षक आंदोलन. रापणकार, कामगार आंदोलन, कोंकणी प्रजेचो आवाज, गोवा बचाव आंदोलनात सक्रीय सहभाग.

'शेल्टर', 'रॅगींग', 'बाकीबाब', 'एम्. बॉयर' 'फ्लो ऑफ प्रॉस्पेरिटी' आनी 'पद्मभूषण, ज्ञानपीठकार रवीन्द्र केळेकार' आदी माहितीपटांची निर्मिती.

मेथये पावलां

दिलीप बोरकार

5622

बिम्ब
प्रकाशन

मेथये पावलां

(कोंकणी कवितासंग्रह)

दिलीप बोरकार

Methye Pavlam

(Konkani Poems)

by

Dilip Borkar

प्रकाशन क्र. ७८

© दिलीप बोरकार

पयली आवृत्ती

ऑगस्ट २०१०

छापणावळ

इम्प्रेशन्स

बी-२, 'अक्षर आर्केड'

३३६०/४, गोंधळी गल्ली,

बेळगांव - ५९० ००२

अक्षर जुळणी

बिम्ब प्रकाशन

दर्शनी चित्र

हर्षदा केरकार

प्रकाशक

कामिनी किणी

'धर्म-लक्ष्मी', सांत लॉरेन्स,

आगशी - गोंय ४०३ २०४

दूरध्वनी : (०८३२) २४३८३५५

मोल : ₹ १००/-

5622

P/Kon

Konkani Language & Cultural Foundation (R.) * Mangaluru

बाकीबाब,
साहित्य अकादमी खातीर
तूं कोंकणी कविता संग्रह
संपादीत करतालो आनी
हांव तुका मजत करतालों.
तेन्ना तुवें म्हळें, तूं कवी मरे?
मागीर तुज्यो कविता हातूंत कित्याक ना?
आनी मुजरत म्हज्यो कविता घेवन
तुवें तांचो आसपाव कोंकणी कवितेच्या
ह्या प्रातिनिधीक संग्रहांत केलो.
म्हज्यांतल्या कवीचेर तुवें मारिल्ली ती म्हौर!
तेच पासत तुज्या जन्मशती वर्साक
हो काव्यसंग्रह समर्पित.

मांडावळ

❁ स्वागत 'मेथये पावलां' वेल्या कवितांचें
– रमेश भगवंत वेलुस्कार / ७

❁ वाट चलतां चलतां
– दिलीप बोरकार / १७

❁ कविता मेथये पावलांवेल्यो / २१

❁ कविता वाटेवेल्यो / ४३

❁ कविता सिगारावेल्यो / ८३

स्वागत 'मेथये पावलां'वेल्या कवितांचें

कविता हो कोंकणी साहित्याचो कणो अशें म्हटल्यार मातूय अतिताय जांवची ना. आजवयर कोंकणींत कविताच चड जल्माक आयल्या हातुंतूय दुभाव ना. अंदू वर्सा बाकीबाबांची जल्मशताब्दी उत्सव चल्ला. १९८१ ह्या वर्सा बाकीबाबान संपादीत केल्लो आनी साहित्य अकादमी, नवी दिल्लीन प्रसिध्द केल्लो एक प्रातिनिधीक काव्यसंग्रह. ह्या संग्रहाच्या अंताक दिलीप बोरकार हाच्यो तीन कविता बाकीबाबान ह्या संग्रहांत संग्रहीत केल्ल्यो. ताची याद जाली. आनी कैक वर्सांच्या अंतरा उपरांत काय जायना आतां ह्या कवीचो संग्रह येता ही आनंदाची गजाल. ह्या कवितांमदीं एक कविता लक्षणीय आसली. तिका नव्याची सुलूस आसली. रातीच्यो कविता शिर्शका सकलची कविता. 'चान्ने राती/तुवें हांवें/नखेत्रांच्या शब्दांनी/ दुधाळ मळबार/ मोगा कवीत रचलें/ पूण.../ कोणे तरी दुश्टान/सुर्याच्या डस्टरान/सकाळींच पुसलें.' हे कवितेक नकेत्रांक भास करपाची सुर्याक डस्टर करपाची शक्त आसली.

मदल्या काळांत दिलीप बोरकारान गद्य साहित्याची साधना केली. ताणें नाटकां बरयलीं. फाटलीं विशेक वर्सां तो सातत्यान वृत्तपत्र लिखाण करता. आनी फकत करताच न्हय तर वाचक ताच्या लिखाणाक रावतात अशी आकर्शकताय ताच्या लिखाणाक आसा. निबंद लेखन, प्रवासवर्णन, बाल साहित्य, वैचारीक लेखन, कादंबरी लेखन अशा वेगवेगळ्या सशक्त लिखाणाच्या माध्यमांतल्यान आपलें साहित्य उजवाडायत तो गेलो. आनी आतां सुमार तीस वर्सां उपरांत तो आपलो काव्य संग्रह लोकार्पण करपाक तयार जाला. 'मेथये

पावलां' ह्या शिर्शकाचो हो काव्य संग्रह आनीक कांय दिसांनी वाचकांच्या हातांत पडटलो.

ह्या संग्रहांत तीन वांट्यानी ह्यो कविता वाटल्यात. पयल्या भागांत 'मेथये पावलांवेल्यो कविता', दुसऱ्या भागांत 'कविता वाटेवयल्यो वाटेच्यो' आनी निमण्या भागांत 'कविता सिगारावेल्यो' कविता.

'मेथये पावलांवेल्यो कविता.' ह्या भागांतल्या पयलेच कवितेचेर मन वंयता तेन्ना मनशाच्या जिवितांत जेन्ना नव्यो नव्यो जाणिवो कुचकुचीत माणकुल्या कोंबऱ्यानी भरून ल्हवूच ल्हारेवंक लागता त्या दिसांचो उगडास भरून येवपी ह्यो कविता.

कोणाच्या तरी मेथये पावलार
मन म्हजें रंगलां
रेंवेंतल्या पावलां खुणांत
चित्त खोल रोंबलां

हरशीं रेवेंतली पावलखूण कितली खोल आसता तें आमकां दर्यादेगेर रावप्यांक खबर आसा. पूण ह्या पावलखुणांनी खोल रोंबपाचें धाडस आनी गिन्यान हें फकत त्या सैम समृध्द सृजनात्मक जुवान काळाकूच खबर आसता, त्या काळाक दिलीप कोंकणी कवितेच्या भव्य रसमी पटार अक्षरावन दवरता. म्हणून ताचें भान विसरलेले कान आमकां पांयजणांतल्या छुमछुमत्या अनुरणनांत पळोवंक मेळटा.

कोंकणी कवितेच्या मळार कोणूच कोणाचेर चडसो बरयताना दिसना. आनी जेन्ना बरयतात, सांगल्या उपरांत, तेन्ना अशे तरेन बरयतात की तो एकलोच कवी कोंकणी बरोवपी आसा सो! हाका लागून काव्याक ताची फाटभूंय आसता, ताचेर जाल्लो पूर्वसुरींचो प्रभाव आसता. तो ह्या सगळ्यांक प्रत्यक्ष जाता, आनी मागीर ह्या प्रभावाचेर मात करून आपलें भवितव्य रेखता आनी यशस्वी जाता असो प्रोसेस आसता; अशी प्रक्रिया आसता, हाची जाणीव ह्या नव्या कवींक करून दिंवची आसता. पूण नेमकें हेंच काम जाल्लें नासता. सांगचें म्हटल्यार दिलीपाची एक कविता मेथये पावलांतली पळयात ह्या संदर्भांत.

एक सांवर
दुख्खी
पिसुडलेली, झडपिल्ली
सैमान बलात्कार करून लेगीत
बोंडा खातीर जियेवपी
आनी
एक सांवर
दुखजैती
नवी आंकरी फुटून

ही एक दुख्खी सांवर. हे सांवरीक इतिहास आसा. ही सांवर अशी उबून हांगा पावूंक ना. सांवर ह्या उतराक कोंकणी साहित्यांत कवितेच्या मळार हाडपी कवी म्हटल्यार कवी रमेश भगवंत वेळुस्कार. शणै गोंयबाब शताब्दी वर्सा ही कविता हांवें कितल्याशाच लळितकांनी म्हटल्या. एक उत्कृश्ट कविता म्हण म्हाकां दामोदर अच्यूत कारो. बाकीबाब, शंकर रामाणी, र. वि. पंडित अशा दिग्गजानी आनी तमाम काव्यरसीकांनी सांगिल्लें. रामाण्यांनी तर ती म्हजेकडल्यान खूब फावट म्हणून घेतल्या. हे सांवरीचो संबंद दिलीपाचे सांवरीकडें आसा. दिलीपाची कविता समजून घेतना हे पयले सांवरीचो रुपकार पळयले बगर ताची कल्पना येंवची ना.

उकत्या बांधार
त्या उकत्या बांधार
भर दनपरां
धल्ली घट्ट वाऱ्यान
सावरेक
किरमिली
लज भीड धरिनास्तना
तो गेलो–
ती आंग झडपीत रावली

'जेश्टाचे शेंपडेक किल्लली आशाढाची काया' हे म्हणणे प्रमाणे

एकांतल्यान एक अशें सदांच घडटा. एकाद्री गजाल घडटा. ती आपशींच निर्माण जाली अशें केन्नाच आसना. तिचे धागेदोरे सदांच तिच्या भूतकाळांत आसताच आसता. मनशाच्या सगळ्याच वर्तनाचो संबंद असो ताच्या सयभोंवतणी पातळ्ळेल्या सगळ्याच घटकांकडें आसता. कांय पावटीं हें सहज दिश्टी पडटा जाल्यार कांय पावटीं कालांतरान कळटा. तर सांवर कोंकणी कवितेंत एक आपलेंशें व्यक्तिमत्व तयार करता. तिच्यो जाणिवो मनशांच्या मनांत येवन आपलें रूप ताचेकडच्यान पुराय करून घेता म्हटल्यार म्हाकां तरी अजाप दिसचें ना. तसो बाकीबाबान, मनोहरबाबान सांवरीच्या फुलांचो उपेग दुःख व्यक्त करपाक वापरला. पंडितान सांवरीच्या कापसाचो उपेग दाखयला. पूण अख्खे सांवरीचें व्यक्तिमत्व पयलें आयलें तें म्हजे कवितेंत. तिचें एकटेंपण, तिचें असहायपण, दनपारच्या वेळांतलें सुनसानपण, बलकाय वारो. ताणें तिचेर केल्ली जबरदस्ती. तो वयता. ती आंग झडपिता न्हय तर ती आंग झडपीत रावली. सदांकाळाखातीर ती आंग झडपीत रावली. ही कविता खंयच कसलेच कमेंट करिना. ती फकत एक दृश्य निर्माण करून दाखयता. एक ल्हान सुपुल्लो चित्रपट. पूण तातूंत काळ, घटना आनी सर्वकाळ अशीं चलतचित्रां येतात. कमेंट्स लोकांचेर, दर्शकांचेर सोडल्यात. आनी बरोब्बर हांगासर दिलीप कमेंट सुरू करता.

एक सांवर
दुख्खी
पिसुडलेली झडपिल्ली

ह्या वयल्या उतरांनी ताचे कमेंट्स सुरू जातात. तो हे सांवरेक दुःखी समजता. ताका ती पिसडून उडयल्ली आनी झडपून उडयल्ली दिसता, सैमान बलात्कारीत करून उडयल्ली अशी दिसता. पूण ह्या सैमप्रक्रियेंतल्यान निर्माण जाल्ल्या दुख्खाचें सांस्कृतीक धन निर्माण करिना ही कविता. तिच्या म्हटल्यार सांवरिच्या दुःखाचें रुपांतर दुःख जैतांत करता. तिच्या दुख्खांतल्यान एक दुसरी सांवर आपल्याक सांवरून घेता आनी दुख्खाचेर जैत मेळयता कारण तिका ह्या सैमाचेंच काम फुडें चलोवपाचें आसता. दुख्ख हें एके अवस्थेचें रूप जाल्यार ते अवस्थेचें रुपांतरूय सहज शक्य आसा अशे कमेंट्स आनी सुंदर कमेंट्स आनी दिलीपाच्यो कविता एक निश्चित आनी विधायक तशेंच आश्वासक आनी

चिंतनात्मकतेची गवाय दिवपी कविता हांवें लक्षणीय म्हटलेली ताचें कारण हेंच.

एक गजाल हांगा म्हाका मुजरत सांगन दिसता की कविता ही फकत कविताच असता. ती निसर्ग कविता, वा इतिहासीक कविता, सोशल कविता अशें कांय नासता. कवितेंत कितले तरी घटक अशे आसतात जे तमाम असल्या वयल्या घटकांचो परिणाम म्हणून घडत आसतात. सांवरीवयल्या वयल्या ह्या कवितांनी त्यो फकत सैम कविता ना. म्हजे कवितेंतलो 'तो गेलो' - हीं दोनूच उतरां मनशाच्या उद्दाम प्रवृत्तीच्या लोकांचें नश्टें कर्तुब तर दाखयताच पूण ह्या लोकांकडे आपली जबाबदारी न पेलपाची बेजबाबदार वृत्ती आसता तिचेर बोट दवरता. वक्तव्यांतल्या असल्या सुक्षीम जाणिवांच्यो गजाली हेरपी समीक्षक जो मेरेन निर्माण जायना तो मेरेन कोंकणी साहित्याक आपलें खरें रूप कळपाक कळावूच लागतलो. हांगासर आनी एक गजाल म्हजे मतींत येता ती ही, की निर्मितीचे घटक ताच्या फाटल्या परिसराचेर आसता. त्या परिसरांत घडटल्या घडणुकांचेर आसता जाल्यार हे कवितेंत सैमूच उलयता. झाड उलयता. मनशाच्या तोंडांतल्यान वा जाणिवेंतल्यान उलयता. कारण मनशाचो या झाडाकडें फिजीकल संबंद आसा. ताचो अख्खोच्या अख्खो जीव ह्या झाडार पोसता. मनशाच्या जिनाचो संबंद ह्या झाडामेरेन बी पावना मू? कारण हो जीन, ही गजाल अशी स्वतंत्र गजाल आसूंच शकना. आनी ह्या जिनाचो बरोचसो वांटो झाडूच आसूं येता. मनीस जो सैमाचो मोग करता, ह्या झाडां पेडांचेर मोग करता तातूंत ह्या झाडांचो आमच्या जिनात आसलेलो वांटोय आसूं येता. म्हाका तरी हातूंत दुबाव दिसना. आनी हे खातीर निसर्ग कविताच आमकां वेगळे तरेन अभ्यासची पडटली.

मेथये पावलांच्यो कविता ह्या भागांतली आनी एक कविता म्हाकां जागयता ती 'पडींग मळार वसंत फुलोवंक' हे ओळीन सुरू जावपी कविता. आमचो कवी 'बोरकारी' खातीर फामाद. सद्याक कांय लोकांच्या तोंडार, 'ही कितें बोरकारी?' अशीं उतरां येतात. पूण बोरकारी म्हटल्यार कितें? तें अशें सहज सांगपाक येवपाचें ना. कारण तातूंत बोरकार धरून, आमचो सामाजीक समज आनी त्या समजांतलें उंच उणाकपण, ल्हान व्हडपण, बरें वायटपण, खरें

फटपण, मुल्य अमुल्यपण हांच्या आदारान बोरकाराक जेन्ना ताचे अतिसुक्षिम नदरेच्या आदारान जाणवता तो प्रतिक्रियात्मक खीण, आपले खाशेले आयटीन तो तें उतरांनी व्यक्त करता. 'पडींग मळार वसंत फुलोवंक/आमीच हांगा गायलीं गितां/ पुर्वजांच्या मालवजाचेर/ कोगूळ मिरोवन गेली फितां' काम करपी धड लोक आनी काम करताशें दाखोवपी उखलापे लोक. ह्या उखलाप्या लोकांचेर उडयल्लें हें सुंदर त्रोस सहजपणान मनान भरता. दिलीपावांगडाच तें समाज मनाचेंय आसता म्हणून तें लोकांक आवडटा. बोरकारी अशे तरेन आपलो प्रभाव कवितेंतूय दाखोवन वयता.

हाडले आमी मानांय आनी
सांगलीं तांकां कोणे बातां
आमचे हातांत कट्टी हांगा
भलतेच घेवन गेले मतां

अशे कवितेंतले भलतेच लोक आमचीं मतां घेवन गेले आनी आमच्या हातांत कट्टी दिली हेंय तशें आमच्याच समाजाचेर केल्लें एक व्हडलें त्रोस. बोरकारींत होच सभाव आमकां प्रामुख्यान दिसता.

वाटेवयल्या कवितांचो तोंडवळो आनी अंतर मोगयाळें. चडांत चड कविता आसात त्यो मोगाच्यो.

सोडय बाये मन म्हजें
तुजे यादींत घुस्पलां
घडय आतां जिवीत म्हजें
तुज्याच मोगान फाफसलां

आतां ही वाचतना तुमकां मनोहररायांची याद सहज जाता. कारण कांय गजालींचो सांगात (association). 'केंस वळयतना/जपून वळय/ तुज्या केंसांत/ म्हजें मन घुस्पलां' ही कविता याद जाता. दिलीपाची कविता तशी ना. पूण तांतले कांय रचनाबंध तशे आसात. ते रचनाबंध आमचे तकलेंत इतले भरलेले आसतात की तांची याद सहज जांवची. पूण हे कवितेचो सगळोच आटाप वेगळो आसा. पूण पूर्वसुरींच्या काव्याचो प्रभाव घेवनूच तर नवे कवी कविता मुखार व्हरत आसतात. संवसारांतल्या सगळ्याच भासांनी हें घडटा.

दिलीपाचे कवितेंत हें समर्थपणान आनी विधायक तरेन कवितेक फुडें व्हरपी ठरूं येता.

मेथये पावलांवयल्या भागांतली १६ नं. ची कविता खूब सुंदरतरेन जमून आयल्या. हांगा कवीच पावस जाला.

घसघशांचें उदक म्हजें
सृश्ट सगळी घोंट्टा

हांगा कवी व्यापक अशा जाणिवांचो अणभव घेता. सवन सृश्टीत एकरूप जावपाचो अणभव. मनीस जेन्ना मूर्त अनुभवांतल्या अमूर्ताच्या अनुभवांत वयता तेन्नाच हें असलें सगलें घडटा. कारण म्हाकां हें शारिरीक पातळेर अणभव घेवंक जमना तेन्ना हांव म्हजी मूर्त जाणीव सोडून हांव मानसीक पातळेर देंवतां. मनान हांव सगळ्या मूर्तांत देंवतां. म्हजें शरीर सोडल्या उपरांतूच हें म्हाकां शक्य आसता. आमच्या मानस वेव्हाराचीं ही तमाम तासां.

पानां जिबेन चाटीत थेंब
झाडांय उबीं न्हावन धुवन

अशो नव्यो नव्यो प्रतिमा मनाक भुल्लुसयतात. हांगाच आमकां शिरत्यां पदरांत लिपलेलें घडावलें दिसता. एक निखळ अशी सुंदर कविता ही.

क्रमांक १७ची कविता. ही कविता वडाचेर आसा काय कावळ्यांचेर आसा, काय वडाचो इतिहास निर्मुपी आसा तांचेर आसा काय वडाक मानतल्या भावार्थी मनशांचेर आसा? सगळ्यांचो संबंद वडाकडें. एक समज असो आसा की कावळो जेन्ना वडाचें फळ खाता आनी ताचे विश्टेंतल्यान भायर आयिल्ल्यो ह्यो वडफळाच्यो बियो जंय पडटात थंय वड मूळ धरता अशी एक आख्यायिका हांवें कांय जाणांच्या तोंडांतल्यान आयकल्या. ही लोककथा काय कितें तें खबर ना. घडये हें मिथक आसूं येता. वडाकडें आनी एक गजाल खूब म्हत्वपूर्ण आसा ती म्हटल्यार वडाच्यो खांदयोच जमनीत रोमून वडाचीं मुळां जातात, अशे तरेन वडाचें एक खाशेलें अशें जिवीतचक्र आसा. ह्या सगल्याच्या मालवजार जेन्ना ही कविता आमी पळयतात तेन्ना एक आलेख हे कवितेसंबंधान निर्माण जाता. हातूंत वडार रावपी कावळे, हो मनीस जो वडासंबंदी उलयता तो, वडाक सारें कोण घालता हाचो इतिहास जाणा काय म्हण विचारपी मनीस आनी वडाच्या

झाडाचो सांस्कृतीक आनी देव देवस्कीय संबंद निर्माण करपी मनीस आनी कावळ्यांचे विश्टेक लेगीत प्रसाद मानपी ताची वृत्ती हांतल्यान निर्माण जातली इतिहासीक सृश्ट, हो एक सुंदर आलेख मनशाचे वैचारीकतेचो, समजाचो.

'कविता वाटेवेल्यो वाटेच्यो' हो दुसरो वांटो. ही वाट मोगाची. ह्यो सगळ्यो वाटेकडे संबंदीत. ताच्यो तिचेमेरेन वचपाचे वाटेच्यो. ह्यो सगळ्यो कविता मोगाच्या सुक्षीम संबंदाकडे नातें सांगपी आसात. जण एकल्याच्या मोगाक हें सुक्षीम आंग आसता. जणएकल्या परस वेगळें. सगळ्यो मोग्यांक ह्यो कविता आवडटल्यो. अळंग जावन बरयल्ल्यो ह्यो कविता. वाट हो ह्या कवितांतलो मुदल शब्द आनी माध्यम. ह्या माध्यमाच्या आदारान प्रियाराधन चल्लां. ह्या प्रियाराधनाची सुरवात मात दिलीपान शृंगारीक केल्या.

तुज्या दोन थानांमदल्यान
ल्हंवेची एक अळंग वाट
तुजे बोंबले मेरेन वता

तशें धक्कादायक अशें कांयच ना ह्या उतरांनी. आयच्या छापून येतल्या संवसारभरच्या लिखाणांत आनी चित्रपटानी अशी अभिव्यक्ती खूब फावटी जाता आसल्या कारण तशेंच वाचकांकूय तें खबर आसल्या कारणान हें धक्कादायक ना अशें म्हाका दिसलें. पूण हो विशय कवितेचो जांव येता ही जाणीव कोंकणीत नवी म्हणू येत. कांय जाण हें मत आतां पोन्नें जालां अशें म्हणत जाल्यार हांव ना म्हणचो ना. पूण आतां मेरेन कवीन फकत एक वाट दाखयल्या. कवी ते वाटेचो उपेग कसो करता आपले प्रियेमेरेन पावपाक तें म्हत्वाचें.

ते वाटेवेल्यान
वंठांच्या पावलांनी हांव
तुजे बोंबले मेरेन येवन
बोंबलेच्या तळ्यांत जर
हांवें आत्महत्या केली
तर तुज्या काळजांत
हांव पावत काय?

कविता आमी पयलेच फावट वाचतात तेन्ना बरी दिसता. पूण खंयचीच

कविता एका वाचनात केन्नाच सोंपना. ती सुरू जाता. मेळपाक. जसजशी आमी ती वाचीत वयतात तशी तशी तिची खुमारी वाडूंक लागता. अशी खुमारी वाडूंक दिता तीच कविता वाचकाच्या काळजार राज्य करपाक लागता. हें राज्य बळजबऱ्यां निर्माण जायना. जी अस्तुरी ज्या पुरुषाक आपलो मानता तीच अशी आपलें सर्वस्व ताका उक्तें करता. जे अस्तुरेन त्या प्रियकराक आपलें शरीर धन उक्तें केलां ताका तिच्या थानां मदल्यान तिच्या बोंबले मेरेन वचपी ल्हंवेची अळंग वाट नियाळपाक गावल्या. हें सगळें मोगाबगर शक्य नासता. आनी जाका मोग मेळ्ळा तो काळजांत पावल्याबगर कसोच उरचो ना. शिवाय आत्महत्या हो विचार कितें तेंय कळना. आत्महत्या केल्यार मोग मेळटा असो संकेत खंयच मेळना. तो मेळना जाता तेन्ना आत्महत्येचो प्रयत्न म्हणचेंच असमंजसपणाचें वागप समजुंचें. ही हे कवितेंतली आत्महत्या आनी तिची गरज आसा अशें खंयच दिसना. आनी अस्तुरेच्या काळजाचेर राज्य करपाक आनीक दुसऱ्या कामांचो आस्पाव जांव येतलो. सुरवातेकूच ही कविता अळंगपण हाताभायर सोडटा अशें दिसलें. शृंगारांत अशें इतलें उखलापें चिंतू येता काय हो एक वेगळोच प्रस्न उप्रासूं येता. ही वाट व्हडलीशी आकर्शक, अशें दिसलें ना, ही शृंगारीक आसुनूय. त्या मानान नं. दोनची कविता बरी दिसली.

म्हजे हे दोळे न्हय
ते तुजे वाटेचे स्त्रोत
म्हज्या दोळ्यांतल्यान
एक अळंग वाट
तुज्या दारामेरेन वता
ते वाटेवेल्यान
तुजीं नकसूद पावलां
वाट चलतात
म्हज्या काळजाची

ही वाट सादी. पूण आवडपासारकी. आनी कवीक हे वाटेन आपले प्रियेन ताच्या दोळ्यांत येवन आत्महत्या करची अशें दिसना. तशें दिसना हीच हे कवितेची जमेची बाजू.

चौथी कविताय अशीच सुंदर आसा. पांचवे कवितेंत वाट भयंकर दुःखी. ६ वी कविता कवीची वाट लावपी. ७ वी कविता आवडली. ही सादी, सामान्य, कांटे कुटे आसलेली पूण काळजामेरेन पावपी. ९ वी कविताय अशीच आश्वासक जंय कवीच्या काळजाचोच स्वर्ग जावन गेला.

तुजे वाटेक
फाट करूं म्हणटा?
जंय फाट करतां
थंयच्यान तुजी
वाट दिसता...

ही कविता खूब आवडली. प्रेमान भल्लेलो मनीसूच असले वाटेचो अणभव करूंक शकता. पूण कविता म्हणुनूय ही कविता वाचकाच्या मुखार एके अपरिहार्यतेचें अशीम अशें चित्र उबें करता. जिका फुडो केलो, नाजाल्यार अशें म्हणूं येतलें की जिका लागून जिचे वाटेक फुडो केला तिका फाट करप कशें अशक्य जाता, हो अणभवूय जिवंत जाल्लो भासता.

ह्या वाटेवेल्या कवितानी मोग-विरहाचे बरेच प्रसंग आसात. पूण कांयकडेन बरेतरेन अपरिहार्यता केळोवपाक कमी पडटात काय कितें अशें जाणवता. अभिव्यक्ती कामूक पूण मात्शी भाबडीशी दिसता.

'कविता सिगारावेल्यो' ह्या तीन कवितांच्या भागानी हो संग्रह.

दिलीप बोरकार कवितेच्या मळारूय आपलेशें निश्चित पावल उडोवंक शकतलो इतल्यो आश्वासक ह्यो कविता आसाच आसा. मनशाच्या मनांतल्या नव्या नव्या जाणिवांक, नव्या नव्या आकलनांक आनी नूतन कल्पनाविश्वाच्या संवेदनाक आकार दिवपाचें काम कविता करता. आनी दिलीपाचें संवेदनशील मन फुडारांतूय आमकां हाचेयपरस सुंदर कविता दितलें हाचे बद्दल दुबाव ना. ताच्या ह्या संग्रहाचें मनापसून स्वागत.

– रमेश भगवंत वेळुस्कार

वाट चलतां चलतां...

वाट चलपाक आरंब केलो काळजांत कविता घेवन. काळजांत एक कविता जियेत आशिल्ली. तेन्ना तो प्रकार कितें हाची जाणविकाय नाशिल्ली. जेन्ना कविता म्हणचे कितें हें कळूंक लागलें तेन्ना जें कितें काळजांत हांव घेवन आसां ती कविता म्हणपाचें भावलें. आनी तेन्नाच्यान म्हाका, कविता आनी म्हाका वेगळें करपूच जमलेंना. सद्या कविता आनी हांव हातांत हात घालून जिणेची वाट सारतात.

खरें म्हळ्यार हांवें बरोवंक आरंब केलो तो कवितेंतल्यान. हांव जाणां, कविता बरोवंक येना. ती काळजांत किल्लता. तिका मागीर अचळय काडून कागदार दवरची पडटा. जिणेची वाट चलतां चलतां खंयीय शेणत म्हूण! ताकाच आमी भोवतेक बरोवप म्हणटात आसुंये! हें कवितेचें बरोवप चलतालेंच. पूण पुस्तक रुपान येवपाक मात बरोच कळाव लागलो. अठरा-वीस गद्य पुस्तकां आयल्या उपरांत हो कविता संग्रह उजवाडाक येता...

अजून मेरेन हांवें म्हज्या खंयच्याच पुस्तकाक कोणाकडल्यान प्रस्तावना बरोवन घेवंक नाशिल्ली. म्हाका प्रस्तावनेची गरज दिसूंक ना. नवो कोण बरोवपी आसता ताका ताच्या पुस्तकाक प्रस्तावना जाय आसता. ती त्या मळावेलो कोणतरी ज्येश्ठ आनी नावास्तो बरयता. ताचें कारण म्हळ्यार नवोदीत बरोवप्याक कोण वळखना आसता. ते पासत ताचें पुस्तक सहसा कोण हात लावंक वचना. पूण त्याच पुस्तकाक जर एखाद्र्या नावास्त्या मनशान

प्रस्तावना बरयिल्ली आसत जाल्यार ताच्या नांवाक लागून तें पुस्तक कोणूय घेवंक वता. म्हणचे प्रस्तावना म्हळ्यार अमूक पुस्तक वाचपा सारकें आसा अशें प्रस्तावनेच्या रुपान दिल्लें तें एक प्रमाणपत्र आसता. हांव जें कितें बरयतां ताका प्रमाणपत्र दिवपी कोणतरी आसा अशें म्हाका केन्नाच दिसलेंना.

आज पयलेच खेप हांव हांगा रमेशाकडल्यान प्रस्तावनां घेतां. रमेश एक कवी, काव्यांत जगपी मनीस हें जालेंच. ते भायर तो म्हज्याच वाठारांतलो. ह्याच वाठारांत आनीक एक कवी जावन गेलो. र. वि. पंडित. पंडित आशिल्लो जाल्यार हें प्रस्तावना बरोवपाचें काम हांव ताकाच सांगतलों आशिल्लों. म्हजी पयली कादंबरी, म्हळ्यार कादंबरीचें हातबरप ताणेंच वाचून म्हजी तोखणाय केल्ली. ती कादंबरी मराठींत आशिल्ली आनी तिचें छापप केन्ना जालेंच ना. उपरांत म्हज्यो सिगरेटीवेल्यो कविता ताणें वाचल्यो. पन्नासेक कवितांचो तो संग्रह पंडित घेवन गेलो. आपूण छापतां म्हूण. ताणें तो खंय तरी शेणयलो. तो कविता संग्रह आयिल्लो जाल्यार हो म्हजो दुसरो कविता संग्रह थारपाचो. कितें कोण जाणां म्हाका केन्नाच म्हज्या हस्तलिखिताची प्रत दवरप जमलेंना.

तर पंडित आतां ना. ताचोच शेजारी रमेश आसा, काळजांत कविता किल्लली म्हणटकच ती कोणाक दाखयल्या बगर रावूं नज जाता. हो किल्लवपाचो प्रकारूच सामको अप्रूप. धर्तरेभितरलें बीं किल्लल्या बराबर तें धर्तर फोडून, आंगावेलीं कल्लां कुशीक सारून सुर्याक तें किल्लप दाखयता. काळजांत कविता किल्लली आनी तें किल्लवप कोणाक दाखयलेंना जाल्यार एखाद्रें काळीजूय फुटूं येता... आनी तें दाखोवपा खातीर आमचेकडेन रवी परस सशक्त कवी आसा. आमी म्हळांच न्हय... जे न देखे रवी ते देखे कवी! तेन्ना हें कवितेचें किल्लप, किल्लल्या बराबर जाचे मुखार दवरप जाता त्या रमेशाकडल्यानूच ह्या पयल्या वयल्या कवितासंग्रहाक प्रस्तावना बरोवन घेवंची अशें दिसलें.

ते भायर रमेश म्हजो गुरू. हांव जे शाळेंत शिकलों त्या दयानंद आर्य हायस्कूलांत रमेश तेन्ना शिकयतालो. थोड्या तेंपा खातीर आयिल्लो. उपरांत

ताका साहित्य अकादमी पुरस्कार लाबलो. ते आदी पंडिताक तो मेळिल्लो आनी योगायोगाची गजाल म्हळ्यार म्हाका साहित्य अकादमी पुरस्कार कन्फर्म करपाचे निमणे निर्णायक समितीचो रमेश हो एक वांगडी आशिल्लो. तीग जाणांचे हे समितीतल्या दोगांचें एकमत जाता तेन्ना हो निर्णय थारता. त्या आदले वर्सा म्हजें **गोमांचल ते हिमांचल** पुस्तक अंतीम स्तरार पावून भायर पडिल्लें. तेंच पुस्तक परतून फुडल्या वर्सा अंतीम स्तरार पावलें आनी ते समितींत रमेश आशिल्लो. हें सगळें घडून येवपाचें आशिल्लें. अशें हें घडटना म्हजे कवितेविशींचें रमेशाचें मत प्रस्तावने रुपान कित्याक जाहीररुपान मांडचें न्हय? देखून हांवें रमेशाक म्हळें, प्रस्तावनां बरय...

हांव केदे तांकिचो, कितल्या तोला-मोलाचो कवी हें हांव नकळ. पूण एक गजाल खरी ती म्हळ्यार हांव कवी. कवी हो कवीच आसता. तांचे भितर ज्येश्ठ, श्रेश्ठ बी कांय नासता. ताका तोलप, मोलावप बी म्हळ्यार कवीचो अपमान करप. म्हाका म्हज्यो कविता आवडटात. त्यो हांव केन्ना केन्ना गुणगुणटां. तश्यो म्हाका हेरांच्योय कविता आवडटात. देखून त्यो म्हाका म्हज्योच कविता अशें दिसता. कांय कवीच्यो कविता म्हाका वाचतना भावूंक नाशिल्ल्यो पूण त्योच कविता कोणे म्हणून दाखयल्या उपरांत वो खासा कवीच्या तोंडांतल्यान आयकल्या उपरांत थेट काळजांत वचून बसल्यात. म्हणटकच जेन्ना हांवें वाचिल्ल्यो तेन्ना तो कवी श्रेश्ठ नाशिल्लो आनी आतां श्रेश्ठ जालो अशें म्हणपाचें?

खंयच्या मुडांत खंयची कविता दोडटा ताचेर कवितेचें श्रेश्ठत्व आसता. तेन्ना म्हजे तांकिचो आनी श्रेश्ठत्वाचो कस लावपाचो प्रस्नूच येना. हांव पयलीं चार चौगांक एक दोन कविता म्हणून दाखयतालों. कोणाक उत्सुक्ताय आसा तो हस्तलिखीत घेवन वाचतालो. तेंच हस्तलिखीत एका परस चड लोकांकडेन पावचें देखून जितल्यो कविता आशिल्ल्यो तितल्योय छापल्यो. चाळण घेवन चाळून बऱ्यो तितल्योय घेवपाचो अट्टाहास करूंक ना. हांगाय परतून कवी जसो बरो-वायट म्हणून नासता तो कवीच आसता तशेंच कविताय बऱ्यो-

वायट म्हूण नासतात. त्यो कविताच आसतात. एकूच चिटमिटे पडटात ते म्हळ्यार जेन्ना कविता सुचली तेन्नाची तारीक नोंद जावंक जाय आशिल्ली. म्हणचे म्हज्या विचारांचें स्थित्यंतर म्हाकाच कळूंक बऱ्याक पडपाचें. तरी आसूं... फाटल्या पंचवीस वर्सांच्या वाटेवयल्यो कविता... मागीर तातूंत आसूं 'वाटे'वयल्यो चडश्यो कविता...

म्हजे गुरुतुल्य कवीमित्र नारायण सुर्वे हांकां म्हज्यो ह्यो कविता वाचून दाखयल्यो तेन्ना ताणी हो कविता संग्रह येवंक जाय अशें सांगिल्लें. **वाटेवयल्यो कविता** हें संग्रहाचें शिर्शक तांकां आवडूंक नाशिल्लें. कित्याक 'वाटेवरच्या कविता' म्हणून मराठींत एक कविता संग्रह आसा. तेच पासत ह्या संग्रहाचें नांव दुसरें आसचें असो विचार आयलो आनी रमेशबाबान 'मेथये पावलां' हें समर्पक नांव सुचयलें. म्हजी चित्रकार मैत्रीण हर्षदा केरकार हाणें ह्या संग्रहाक उत्स्फूर्तपणान समर्पक मुखपृश्ठ चितारून आनी रमेश वेळुस्कार हाणी प्रस्तावना बरोवन ह्या संग्रहांतलो मेथयेरंग गडद केलो देखून तांचो हांव उपकारी!

– दिलीप बोरकार

कविता
मेथये पावलांवेल्यो

एक

कोणाच्या तरी मेंथये पावलार
मन म्हजें रंगलां
रेवेंतल्या पावलां खुणांत
चित्त खोल रोंबलां

छुमछुमत्या पायजणांत
कान विसरल्यात भान
ल्हवेन ल्हंव शिरशिरल्या
लजेच्या लजे स्पर्शान

कोणाच्या तरी नाजूक पावलांत
मन म्हजें घुसपलां
घुसपून आडखळून लेगीत
पावली मारूंक शिकलां

पावलांच्या सांगाताक
आसा म्हजो सांगात
खंय वता नाका म्हाका
विचारचेंना वाट

कोणाच्यातरी निळ्या दोळ्यांत
मन म्हजें विरगळ्ळां
म्होव्या तुज्या मोगाळ काळजांत
म्हजें हांवच शेणलां

कोणाच्या तरी मेंथये पावलार
मन म्हजें रंगलां
रेवेंतल्या पावलां खुणांत
चित्त खोल रोंबलां

दोन

आतां कित्याक त्यो फाटल्यो यादी
उमास हुंबऱ्यार तेंकली गो
चान्न्याचें आतां सपन रंगोवया
पुनव झिरपून झडली गो

पुनव सोंपली उमास लकली
नखेत्रांचो भार कसो?
रुपांरुपांनी नटली रोहिणी
कित्याक रुसला चंद्र पिसो?

आतां कसो हो परमळ फांकला
रातराणी झडून न्हिदली गो
चान्न्याचें आतां सपन रंगोवया
पुनव झिरपून झडली गो

अद्रुश्टाचे वाटेक हे दोळे
अजून काळजांत आस पिशी
दवांत भिजून थिजल्यो राती
पारजताच्यो रकल्यो राशी

आतां कश्यो ह्यो गुंथच्यो माळो
धागो अचळय तुटलो गो
चान्न्याचें आतां सपन रंगोवया
पुनव झिरपून झडली गो

आतां कित्याक त्यो फाटल्यो यादी
उमास हुंबऱ्यार तेंकली गो
चान्न्याचें आतां सपन रंगोवया
पुनव झिरपून झडली गो

तीन

ल्हारार ल्हार
        दर्यांत ल्हार उदकाचें
ल्हारार ल्हार
        मळबांत ल्हार कुपाचें
धर्तरेर, धर्तरेर ल्हार रेवेचें
तुज्या दोळ्यांत मोगा
        दोळ्यांत ल्हार मोगाचें

ल्हारां हीं येता ल्हारां हीं वता
        ल्हारांची जीण ही आमची
सुखां तीं जाळून दुकां हीं गिळून
        खोसयेन चार खीण सारची

ल्हारार ल्हार
        मनांत ल्हार उतरांचें

ल्हारार ल्हार
        वोंठार ल्हार गीतांचें
म्हजे जिणेंत हे,
        जिणेत ल्हार नादांचें

चार

शेवण्यांनो नाकात रावूं
चलात उडून, चलात उडून

गीम सामको आयला तापून
पानां फुलां गेलीं सुकून
घोंटेर कोणेय मोडचे आदी
खांदयेवेलीं वचात काडून

शेवण्यांनो नाकात रावूं
चलात उडून चलात उडून

कोणाची वाट पळेतात आतां
पीक केन्ना गेली सरून
दाणो-गोटो सोदूं नाकात
पुसून सगळें व्हेलें लुंवून
झाड दुसरें सोदचे खातीर
सांगात म्हजो वचात सोडून

शेवण्यांनो नाकात रावूं
चलात उडून चलात उडून

काम तुमचें भोवपाचें
पोटा खातीर हेडपाचें
काळीज खंयीय नाकात दवरूं
उगडास न्हय ते पेलपाचे
यादी सगळ्यो हांगा सांडून
चलात उडून चलात उडून

शेवण्यांनो नाकात रावूं
चलात उडून चलात उडून

पांच

न्हिंदेचें सवंग घेवन
हांव आयकतां
म्हजे बायलेचें
ताल सुरांतलें घोरेवणें
म्हजी बायल घोरेता
केन्ना खर्जांत
तर केन्ना विलंबीत तालांत
मदीं मदीं तार सप्तकांत
आनी म्हाका होलमतात
तिचे दिसभराचे उतळताप
तिच्या घोरेवपाच्या
दर एके पट्टेंतल्यान
आनी भावता तिची धांवपळ
सकाळच्या उरस्तवारी पासून ती
घरा परतूंक सांजची बस धरपा मेरेनची
तशीच पुलमावांत भरिल्ली थंडी
मदींच हांव उठ्ठां
आनी धरतां तिचें नाक दामून
म्हाका सुखान न्हीद लागची देखून
ती खीणभर जागवता
कूस परतिता आनी
आनी परतुनूय घोरेवंक लागता
ते म्हणसर
म्हजेंय घोरेवप सुरू जाल्लें आसता

तिज्याच सुरांत सूर मेळोवन
तेन्ना म्हज्या कानांत
आनीक एक सूर सुरवळटा
धर्तरमायच्या घोरेवपाचो
हांव मात तेन्ना
सुस्त न्हिदिल्लों आसतां....

स

तें जळामळाक उदक
तो उप्पाट गुप्प काळोख
तातूंत तुजो तो सततचो आवाज
भिवपाची गरज ना हांव सांगाताक आसां
ही आयची न्हय...
चाळीस आनी चार वर्सां पयलींची गजाल
पूण दिसता तुवें तें निकतेंच म्हळां
म्हज्या अंतरकर्णांत रावून
मागीर तुवें म्हळें...
आतां तुवें उजवाडाकडेन वचूंक जाय
भिवपाची गरज ना हांव सांगाताक आसां
पूण एकूच गजाल तुवें करूंक जाय
उजवाड दिसलो रे दिसलो रडूंक जाय
तुज्या रडण्यान...
धतरिर खुशालकाय ओततली
तुजे सांगणेन, तुज्याच सांगाताक
हांव उजवाडाचे दिकेन सरकत रावलों
सरकत रावलों आनी पावलों
एके चित्र-विचित्र सृश्टींत
जंय आदलो काळोख नासलो
नासलें आदलें उदक
जळामळाक उजवाड चकचयाळ
आनी म्हजी मांय दयाळ
जिका हांव वळखल्लों

तिच्या काळजाच्या स्पंदनान
आनी मायेचे उबेन
इतल्यान तुवें याद केली
पापया आतां रड, तूं उजवाडाकडेन पावलो
पूण तुका सांगू म्हाका रडन दिसलेंना
तूं म्हज्या सांगाताक आसतना कित्याक रडप?
हांवें थारायलें हांव रडचोंना म्हळ्यार रडचोंना
मागीर कोण कोण येत रावलीं
म्हाका हुमकळावंक लागलीं
पूण हांव मात्तूय भियेलोना
इतलो काळ तर हांव तसोच आसलों
कोणे कोणे म्हाका खूब दुखयलें
जीं दूख केन्ना हांवें अणभवंक नासली
तरी हांव रडलोंना, फकत हांसलों
ते उपरांत...
हांव, उजवाड आनी काळोख
चाखीत रावलों भोगीत रावलों
तुजो सांगात म्हज्या अंतरकर्णांत घेवन
तुज्या अस्तित्वाच्या भरवंशाचेर
हांव केन्ना भियेलोना, केन्ना झडपेलोना
व्हळपेलोंना ना केन्ना तळफेलोना
फकत तुज्या भावार्थार हांसत रावलों
कित्याक हांवें तुका उतर दिल्लें
केन्ना रडचोंना म्हळ्यार रडचोंना
आनी अशेंच एकदीस तुवें म्हळें

आतां तुका वचूंक जाय
आयिल्लो ते सुवातेर पूण एकट्यानूच
आतां तुका म्हजो नासतलो सांगात
हो प्रवास तुज्या एकट्याचो
पूण भियेवपाची गरज ना...
तुका हे मुखार कांयच जावपाचें ना
आनी म्हाका पयलेच खेप जिवितांत
हुंडके हुंडकेवन रडूंक आयलें
प्रवासाक वचचें पडटलें म्हूण न्हय
तें वचपाचें आसा हें हांव जाणांच आसलों
तुवें सांगलेंना म्हूण कितें जालें
हांव रडलों तें म्हजे पासत न्हय
तुजे पासत, फकत तुजे पासत
म्हजे उपरांत तूं एकटो फकत एकटो
एकटोच उरतलो देखून...
म्हज्या सांगाताविणे...

सात

एक सांवर
दुख्खी
पिसुडलेली, झडपिल्ली
सैमान बलात्कार करून लेगींत
बोंडां खातीर जियेवपी
आनी
एक सांवर
दुखजैती
नवी आंकरी फुटून

आठ

गुरवार रातीच्या
जेन्ना
पोटांत दुखता
फांत्यार
तेन्ना
लजून पळेता
एक अस्तंत झाड
तेज गुरवारीचें
जडावल्ल्या रातीच्या
पोटांतल्यान
घसरता बाळसूर्या
तांबश्या क्षितिजाच्या हातांत
तेन्ना
तें झाड
खोसयेन हांसता
हालोवन आपलें
भांगर रुपेरी
पानान् पान...

णव

भारत भुंयचे पूत आमी, गोंय आमचें मूळपीठ
धाय दिकांतल्यान कोणेय येवंचें चाखचें हांगचें मीठ
जांच्या हातीं हांगा नांगर
तांचींच पावलां चुंबता सागर
माथ्यार जरी नासलो पदर
संवसारार आमकां मान आदर
पदरार जांची पडटा नदर तांचेर आमची मूठ
भारत भुंयचे पूत आमी गोंय आमचें मूळपीठ
सिध्दनाथाचे हावेस आमचे
मांडवी, जुवारेचो माया मोग
आंब्या-पणसा काळीज आमचें
सोयऱ्यां धायऱ्यांक छप्पन भोग
रोग यवन येतीत तांचो वळखूं आमी गूठ
भारतभुंयचे पूत आमी गोंय आमचें मूळपीठ
काळजांत आमच्या वसता धिटाय
तशी मनांत दर्या खराय
गोंय दिसलें सान तरी
येवन उबें मळबा खोलाय
काश्टेकार जांव तो वो मारून येवं कोणूय सूट
घरांत नीस नासलो तरी खोसयेन करूं बस ऊठ
भारतभूंयचे पूत आमी, गोंय आमचें मूळपीठ
धाय दिकांतल्यान येवंचें कोणेंय चाखचें हांगचें मीठ

धा

म्हज्या मनाचो
अथांग दर्या
दोंगरायेदीं ल्हारां
मनाच्च्या खडपार आपटतात
जीव तोडून
तीं ल्हारांय बी म्हजेंच मन
मनाच्च्या दर्यांत
म्हजें मन नागडें न्हाता
ताका लिपून पळयता
म्हजेंच मन
आनी पाणसोरोपूय तेंच
आपल्याकच भिसडावपी...

इकरा

यादीन तूं योगो मेळूंक म्हाका सदच्या जाग्यार
हाड येतना फाटल्यो यादी काडूंक म्हाका फुडल्या काळार
काडटा तुज्या दातां याद
पोरसांतली मोगरे कळी
स्वासांतलो मंद सुवास
मोखता वारो जळीमळी
पदराची याद घेवन धांवता पळे दर्या ल्हार
यादीन तूं यो गो मेळूंक म्हाका सदच्या जाग्यार
कोगळेचो कुल्यार कुलो
भासता म्हाका तुजोच उलो
वोंठा यादी येता वोंठार
चुंबता जेन्ना सोऱ्यापेलो
पोल्यांच्या तांबसेची केली याद मळबान सांजवेळार
यादीन तूं यो गो मेळूंक म्हाका सदच्या वेळार

बारा

पडींग मळार वसंत फुलोवंक
आमीच हांगा गायलीं गीतां

पुर्वजांच्या मालवजाचेर
कोगूळ मिरोवन गेलीं फितां

नेणारांक करूंक शाणे
कितलीं आमी सांगलीं सतां

दर सताक फातर आनी
आंगार कितलीं घेतलीं खतां

दुर्बळांक दिवंक ग्रास
आमीच हांगा ओडलीं जोतां

पीक लुवून व्हेलें कोणे
कसपी हांगा राखती शेतां

हाडले आमी मानांय आनी
सांगलीं तांका कोणें बातां

आमचे हातांत कट्टी हांगा
भलतेच घेवन गेले मतां

निकतीच तर सकाळ जाल्या
येवंची आसा दनपार आतां

जळपाची चिंता कित्याक
पेलचीं आसात कडक वतां

हेच भुयेंक पिंकाळ करूंक
आमीच हांगा शिपलीं रक्तां

पडींग मळार वसंत फुलोवंक
आमकांच गांवचीं आसात गीतां

तेरा

नखेत्रांच्या कानांक
वोंठ लावन फुतफुतपी
म्हज्या प्रिय इमारतींनो
तुमच्या उंचायेच्यो
फकत बडायोच सांगू नाकात
तर...
बुन्यादीचेर
शिपडिल्ल्या रक्ताचोय दोन
जित्यो जागत्यो काणयों सांगात
तुमच्या बुन्यादीचेर
रक्ताचें शिपण केल्ल्या
कितल्याशाच आवयांनी
बुन्यादिच्याच फातरांचें
उशें करून
हुळहुळपी फातरांक
धानांतल्यान सिमेंटचें
इंजेक्शन दिल्लें आसा
ही गजाल तुमी
पुराणांतलीं
वायंगी समजूं नाकात
कित्याक जाणांत
इतिहासाच्या पावलांनी
कितलेतरी
सिमेंट क्रॉंक्रिटचे हात

...dation (R.)*

नखेत्रां कोंचून काडपाच्या
हावेसान
मळबांत उडयो घेत आसात
आनी एक दीस
नखेत्रांचोच हार गळ्यांत घालून
त्या ऽऽ सकयल्या इमारतीनी
वरांडांत लेगीत
सुवात दिलीना ही गजाल
चंद्र-सुर्याक सांगले बगर
ते केन्नाच ओगी रावचेनांत
ते केन्नाच ओगी रावचेनांत

चवदा

तुमच्या सारको दिसलों तरीं
सगळ्यां परस वेगळो हांव
गव्हर्मेंट सर्वंट हांव

सकाळफुडें उठून
फेर्राद्र कपडे घालूंक जाय
घडयाळीर नदर दवरून
ऑफिसांत म्हाका वचूंक जाय
वरान वर मेजतां मेजतां
कामाचें मागीर कितेंय जांव
गव्हर्मेंट सर्वंट हांव

शिकप खूब शिकलां जायत
सगळें हांवें वाचलां जायत
मेंदवार जरी दाटल्या साय
जीब कित्याक उखलूंक जाय?
यस सर म्हणूंक जाणां हांव
गव्हर्मेंट सर्वंट हांव

दोळ्यांमुखार आसून सगळें
पळोवंक म्हाका गावना
आइडेवंचें दिसून लेगीत
जीब ताळ्याक लागना
आंग जरी आसलें म्हजें
म्हजेर ताचो हक्क ना

तरीय पूण सगळ्यां आदीं
मत दिवंक म्हजेंच नांव
गव्हर्मेंट सर्वंट हांव
वाटेर वाटांक फुट्टा वाट
म्हजीच फकत सरळ वाट
रस्तो म्हजो सोडीत जाल्यार
अचूक म्हजी फुट्टा फाट
तुमचेमदीं रावन लेगीत
दवरचो पडटा वेगळो थाट
गांवचो हांव आसून लेगीत
थारला म्हजो वेगळो गांव
गव्हर्मेंट सर्वंट हांव

वादळार वादळ सुट्टा जरी
म्हज्यान तें आडावं नज
पोटार कोणेय मारलें तरी
हक्कान झोंबून घेवं नज
म्हाका कोणूच वाली ना
देवा सायबा तूंच पाव
गव्हर्मेंट सर्वंट हांव
गव्हर्मेंट सर्वंट हांव ...

पंदरा

हांवें फकत कुदळीनूच न्हय
म्हज्या नाखटांनी आनी हाडांनीय खणिल्लें शेत
आनी हय, शेतांत भांगर पिकिल्लें
पूण म्हजें नशीब, म्हज्या पुता
म्हज्या हाताक लागली माती - फकत माती
आनी तेन्ना म्हाका
म्हज्याच शेतांत फोंड खणचे पडिल्ले
हें हांवें न्हय
आपल्या थरथरत्या हातांनी ताम्रपट सांसपीत
म्हज्या बापायन म्हणिल्लें

म्हज्या बापायन म्हणिल्लें
जेन्ना हातांतली लेखणी झोंबून घेतात
जांव हातूच कापून व्हरतात
आनी उतरां केळोवपाचो अधिकार
उरता फकत सत्ताधाऱ्यांचो
तांच्या शिपायांचो
तेन्ना फकत ताळोच न्हय
आंगांतलें रुंवानरूंव उलयता
खतखतपी रक्त
जावन वता चकचकीत उजवाड
आनी कापिल्ल्या हातांतले तुटिल्ले लिखणेन
हो असंतोस, पुरस्मटमार
कागदाचेर न्हय तर

सरळ काळजाचेर बरोवंचो पडटा म्हज्या पुता
हें हांवें न्हय
म्हज्या बापायन म्हणिल्लें
म्हज्या बापायन म्हणिल्लें
सकाळ म्हळ्यार काळखाची गैरहाजेरी न्हय
तरणेपण नासप म्हळ्यार म्हातारपण न्हय
शेवणें आनी पतंग हांच्या उडपांतलो फरक
पुता, कोण रे समजायतलो तुका
स्वतंत्रताय म्हळ्यार परकी सत्तेंतल्यान
सुटप न्हय
कादय सळयांच्या पलतडीं जांव आलतडीं
फरक रे खंय!
काळजांत धगधगपी उज्याची
जर मशाल जाली ना
तर आपल्याकूच ल्हासून गोबोर करता म्हज्या पुता
हें हांवें न्हय
म्हज्या बापायन म्हणिल्लें

म्हज्या बापायन म्हणिल्लें
आनी हांव बोंबलेच्या देंठांतल्यान आड्डल्लों
जाणां हांव सगळें जाणां
पूण मौन म्हळ्यार मान्यताय न्हय
पोट तिडकी वांगडाच
म्हाका म्हज्योय कांय अडचणी आसात
हें म्हज्या बापायन न्हय
हांवें म्हणिल्लें

हांवें म्हणिल्लें
म्हाका म्हज्योय कांय अडचणी आसात
आनी म्हज्या म्हऱ्यांत बशिल्लो म्हजो पूत
किंवाट्यान धतरिर थुंकिल्लो
आनी चाकाचेर आशिल्ले मातयेक
नवो आकार दिवंक गुल्ल जाल्लो
ताणें कांयच म्हणूंक नाशिल्लें

(हे कवितेचो अणकार करचो न्हय. ही कविता मूळ हिन्दीतली कोणे तरी म्हणून दाखयल्ली. तिचेर आदारीत म्हाका कोंकणी सुचली. मूळ कवी कोण तें याद जायना. ती म्हजीच दिसता इतलें खरें.)

सोळा

आज हांव पावस जावन झडटां
केन्ना शेनतां केन्ना झुरमुरतां
केन्ना उटांगराच्या दडकांनी पडटां
हांव पावस जावन झडटां

हांव पावस जावन झडटां
घसघश्यांचें उदक म्हजें
सृश्ट सगळी घोट्टा
हांव पावस जावन झडटां

पानां जिबेन चाटीत थेंब
झाडांय उबीं न्हावन धुवन
शब्दुलीय आडसाक लिपता पळय
माथ्यार माणकुलीं फुलां माळून
शिरत्यां पदरांत लिपोवन घडावलें
बाळंत केळूय मुरगट्टा
हांव आज झडटां, पावस जावन झडटां

शेतां शेतांनी तुंबलां जळ
थामांक नवें आयलां बळ
आगोर सोडून भोंवता पिट्टोळ
धडेर सुके वचून वचून
गाबोळी सोडूंक धडपडटा
हांव आज झडटां, पावस जावन झडटां

झडून झडून थकलां हांव
सूर्या मातसो ताप रे
येवंदी आंगात बळ थोडें
वाऱ्या तूंय मातसो धांव रे
वोता वादळा खातीर हांव
असो कसो अडचतां
आज हांव झडटां, पावस जावन झडटां

सतरा

काळजांतले स्रध्देन पुजा चलत आयल्या
अश्या त्या वडाच्या प्रचंड पवित्र रुखार
सदचीच जाल्या आतां कावळ्यांची कांव कांव
आमोरेच्या वेळार ...
आमोरी
काळोख शिपडायता
वडाच्या पानां पानार
खांदये खांदयेर
कावळ्यांच्या तथाकथीत राबित्याचेर
दिसभर मायेमोगान जियेवपी
कावळे
काळखांत झगडटात खांदयेखातीर
खांदयेवेल्या जाग्याखातीर
म्हज्या
प्रिय कावळ्यांनो
हो रूख कोणाचो?
रुखाच्यो ह्यो खांदयो कोणाच्यो?
हो रूख वाडोवंक
कितल्या जाणांनी, आपल्या हातांनी
उदक सारें घालां हाचो
इतिहास तुमी जाणांत?
इतिहास...!
इतिहास कोणाचो?
ह्या रुखाच्या इतिहासाचें कोणाक पडलां?

पवित्र रुखाचें मूळ तुमकां नाका
तुमी फकत खांदये खांदयेर
उडक्यो मारात
आकांतून कांव कांव करात
मदीं मदीं शिटात
सकयल रुखाक पुजतल्यांचेर
विश्टा पडटा
हाची चिंता तुमकां नाका
कित्याक ते
प्रसाद म्हणून विश्टा
कपलाक सारोवन
सार्थक मानून घरा वचपा इतले
निश्चिंतूच भावार्थी आसात

अठरा

म्हज्या सुखांच्या ल्हारार
तूं पेवूं नाका
खंयचे तरी तडीक पावतलें
म्हज्या दुख्खाचे
खरार्येत बूड तूं
म्हज्या काळजांत रिगतलें

एकोणीस

म्हज्या वोंठानी
तुजो मोग हांवें चोखला
देखुनूच दिसता
तुज्या काळजांतलो तो सोंपला

वीस

पावसा झड
खूब खूब झड
दोंगरार झड
मळार झड
शेतांत झड
थेंब थेंब झड
उटांगरानी झड
तुज्या झडपांत
धर्तर थंडावची आस
तुज्या पडपांत
मायेचो पास
म्हज्याय काळजाक
तुजोच ध्यास
पावसा
आतां घोग्यांनी झड
तुज्या झडपान
धर्तर भिजूं दी
तुज्या येवपान
काळीज रूजूं दी

एकवीस

सोडय बाये मन म्हजें
तुजे यादींत घुसपलां
घडय आतां जिवीत म्हजें
मोगान तुज्या फाफसलां
कसलो हो मोग बाये
कांयच म्हाका कळना
जीण ही पिकल्या तरी
अजून कशीच गळना
मन म्हजें कशें हें
सांगून सांगून वळना
दीस रात जळय म्हाका
जळून जळून जळना

बावीस

तूं पावस जावन येवपाचें आसा
हें जर आदींच कळिल्लें
जाल्यार हांव धर्तर जावपाचों
तुका थेंबा थेंबान म्हज्यांत
जिरोवन घेवपाचों

तूं पावस जावन येवपाचें आसा
हें जर आदींच कळिल्लें
जाल्यार हांव दर्या जावपाचों
तुका ल्हारा ल्हारांचेर जिखून घेवपाचों

पूण तूं पावस जावन
अशें अकस्मात झडलें
आनी हांव पिसो असो
पयल्या पावसांत भिजपूय विसरलों
पयल्या पावसांत रूजपय विसरलों

तेवीस

मसगांच्या धर्मान
पानवेलीक उदक
ही म्हणणी
आतां तशी पोरणीच जाल्या

रुखाच्या आदाराचेर
वेल तगता
अशेंय म्हणप म्हळ्यार
महिला सशक्तीकरणाच्या
ह्या सक्षम काळार
तसो नारी जातीर अन्यायूच

कित्याक हांवें देखलां सृश्टीचे निर्मणेसावन
महारुखांचीं थीर काळजां
लवंडटना
वेलींचे वटेन

Konkani Language ... Foundation (R) ★

चोवीस

आमी
मळबाक जरी घाली गवसणी
तरी
आमी म्हणचेनांत आमचीं
पावलां आसात मातयेंत
कित्याक
आमीच जावन आसात
ही माती
हे मातयेचेच
करतात आमी गणपती
केन्ना देड दिसांचे
सात दिसांचे
जांव मागीर
एकवीस दिसांचेय
तांका पुजले तरी
भान आसा आमकां
तांका बुडोवपाचें
आनी
हेंवूय आसा भान
माती जरी जाले आमी
तरी
हींच माती
कपलाक सारयले बगर
कोणाकूच ना पर्याय.....

पंचवीस

हांव ल्हार ल्हार जावन ल्हारेंतां
वेंगेक तुजे हांव आशेतां
हांव खिदळत येतां, हिंदळत येतां
तुजेच जिणेंत मिसळतां
हांव ल्हार ल्हार जावन ल्हारेतां

ल्हाराचें हें म्हजें जिणें
सैमाचें तें आदीम खेळणें
तुजेच खातीर खेळयतां
हांव ल्हार ल्हार जावन ल्हारेतां
तुजेच पासत जियेतां

ल्हार हांव जालां गाज तुजो
रुवांरुवांतलो साज म्हजो
तुज्याच श्वासांत घुसळायतां
हांव ल्हार ल्हार जावन ल्हारेतां

सवीस

त्या पयसुल्या रानी म्हजी सपनाळी राणी
तिच्या दोळयां पाणी आनी काळीज पाशाणी
घाय घालून गेली काळजा
पाजर लेगीत फुटलो तळपा
तुज्या बगर जीण म्हजी
दिशी माशी लागली जळपा
लोणयांचें काळीज म्हजें बरी न्हय ही जळोवणी
सोड राग धावून यो राधे पुरो बाये फुगोवणी
सोंसलां तितलें पुरो हांवें
घाल येवन गळ्यांत दावें
दर्यांतलें नुस्तें हांव
जगूं कशें जावन सावें
वाट तुजी पळोवन अशी जीव लागला सामको तणी
एकलो एकसुरो जावन पडलां गर्दी आसून भोंवतणी
आसून तूं अशी लागी
तरीय असो हांव दुर्भागी
मनात नाचता मोर मोगी
तरीय हांव ओगी ओगी
न्हय हांव रोगी न्हय हांव भोगी धाडू कशी कळोवणी
सोड रान सोड मान इतलीच म्हजी आळवणी

सत्तावीस

पावस आयला माथ्यार म्हज्या
म्हणटा खंय झडूं
हांवें म्हळें पावसा पावसा
आतां नाका पडूं
प्रिया म्हजी रुसल्या म्हजेर
बसल्या दुबावा सड्यार
हांवूय असो थतर वितर
बसलां वितरागाच्या उड्यार
पडलो जर आतां तूं
येतलें म्हाका रडूं
जग हें फळपाचें
दिवं कशें बुडूं
कुपां घेवन आयला तूं
नाका पयस उडूं
प्रिया म्हजी येतली धावून
मारून मोखून कडू
गोपांत घेवन अरळ म्हाका
दिवचेंना अशें सडूं
तेन्ना तू झड रे पिंशा
अळंग ताका फळूं

अठ्ठावीस

तुज्या दोळ्यांतल्यान
फुलां झडचीं
वोंठांच्या पोश्यान हांवें
अचळय झेलचीं

एकोणतीस

अर्घ्य दिवन दुकांचें
नांव तुजें जपतां
मूर्त बसोवन काळजांत
प्रिये तुका पुजतां

तीस

म्हजो बोरयेचो गांव गाजे धायदिको नांव
कश्टकरी भौस जंयचो ज्याणी वसयिला गांव

देवी नवदुर्गे सासाय तशी सिध्दनाथा वंय
पूत्र किर्तिवंत तांचे पादाक्रांत करी भूंय

सगुणाची भक्ती धरी साईचेर चंवरां
बाकींची नाव पावली सर्वय दिगंतरा

वडारुखाची सावळी जगा वडफळांच्यो अक्षदा
काळजां श्रध्दा दोळ्यां नमळाय हींच जंयची संपदा

येवंचें आनी घेवंची हांगची दिव्यत्वाची प्रतिती
माडयांची उंचाय आनी न्हंयाची नीळ व्हांवती

किर्तिवंत पूर्वज आमचे आमीय काडूं नांव वयर
बोरये गांवचे बोरकार आमी नाच जावंचे सैरभैर

म्हजो बोरयेचो गांव ताची सगळ्या तेर्रा धांव
जोडून जगार नांव, सांगतले होच म्हजो गांव

कविता

वाटेवयल्यो

वाटेच्यो

वाट १

तुज्या दोन थानांमदल्यान
ल्हंवेची एक अळंग वाट
तुजे बोंबलेमेरेन वता
ते वाटेवेल्यान
वंठांच्या पावलांनी हांव
तुजे बोंबलेमेरेन येवन
बोंबलेच्या तळ्यांत जर
हांवें आत्महत्त्या केली
तर तुज्या काळजांत
हांव पावत काय !

वाट २

म्हजे हे दोळे न्हय
ते तुजे वाटेचे स्त्रोत
म्हज्या दोळ्यांतल्यान
एक अळंग वाट
तुज्या दारामेरेन वता
ते वाटेवेल्यान
तुजीं नकसूद पावलां
वाट चलतात
म्हज्या काळजाची

वाट ३

वाटेक वाट
तुजी वाट
म्हजी वाट
दोनांचीय मेळून
जुळटा नाट
कोणाची वाट
कोण लायता
तुजी वाट
तुजोच थाट
म्हजे पासत
पवित्र घाट

वाट ४

वाटेवेल्यान चलतना
म्हाका तुजी याद येता
तुजी याद
धरता फाट
ही वाट
काय तुजें भाट
तुजे वाटेचें नातें
घडत वता
दाट ... दाट ...

वाट ५

तूं येवपाचें आसा
देखून
हांवें तुजे वाटेक
दोळे लायले
आख्खो विखापेलो
तेंडुल वंठांनी
पिवून घेवंचो
तशे म्हजे दोळे
तुजी वाट पियेले
पुराय वाट
रंध्रानी भरसली
पूण
तुज्या पावलांचो स्पर्श
मात वाट विसरलो...

वाट ६

ही वाट खंयच्यान येता?
ही वाट खंय वता?
पावलां पावलां मेळून
वाट जाता
तूं पावला पावलाक
म्हजी वाट लायतां...

वाट ७

तुका येवपाचें आसल्यार सांग
म्हजेकडेन एक वाट आसा
ही वाट सूर्याची न्हय
सूर्यान वाट दवरिल्ली
जाल्यार मळब वाटेर पडपाचो
उज्याचो थर
ही वाट म्हजी
जी हांवें रचल्या
फकत तुजेखातीर
हे वाटेर सगळें आसा
काटे आसात, कुटे आसात
फातर आसात, बितर आसात
जाय तीं तुजीं पावलां
म्हज्या काळजा मेरेन पावपाक

वाट ८

हे अनादी वाटेचो
हांव वाटसूर
आनी तूं म्हजो सूर
वाटसुराक
सूर गावता
तेन्ना भावता
वाटेचो नूर
आनी
जिर्णेत भरता
फकत सप्तसूर...

वाट ९

तुका दिसत
ही वाट म्हजेकडेन येता
पूण
ती वाट सर्गाची वाट
म्हज्या काळजाचो
आतां
एक सर्ग जाला
नमान मोरये
कुरपेन भरलेले
सोमिया देव
तुजे ठांय आसा
हांव मागतां तुजे लागीं
सर्गार जाता
तशें
संवसारांत जावं....

वाट १०

तुवें
म्हजी वाट लायली
अशें
हांव कशें म्हणूं?
तूं
जे वाटेर भेटलें
थंयच म्हाका
जिणेची
नवी वाट गावली....

वाट ११

हांव
असो वाट पिसो
वाट तेळटां
वाटेवेल्या
कांट्या पासत
दुकां गाळटां
येवंचें आसा
तेच वाटेन
तुका म्हजेचवटेन
जिणेंतली
पुण्याय पुराय
तुजे
वाटेर दाळटां...

वाट १२

सूर्यास्ता वेळावयली
वाटेवयल्यान
पयस पयस जावपी
तुजी ती सावली
म्हजी जीण बावली
तरी जावन बसल्या
दोळ्यांतली बावली...

वाट १३

भटो भटो
आपल्यो वाटो
म्हूण हांव
वचूंक शकना
भटो भटो
खंयच्यो वाटो
म्हूण तूं
येवंक पावना...

वाट १४

तुजे वाटेचें
म्हाका लागलां पिशें
ताचेंच आतां हांवें
करून घेतलां हाशें

वाट १५

तूं केन्ना येतलें
तें मातशें
आदीं फुडें कळय
तुजे पासत
म्हाका एक
घडोवंची आसा
नवी वाट
म्हज्यो सद्याच्यो वाटो
तुजे पासत न्हय
तांचेर खूबशे फातर आसात
आसात जायते काटे
आनी आसात
अमुरपिक्यो कविता
तूं येतना
तुका काटे रुतचे न्हय
न्हय तोपचे फातर
आनी जावंची न्हय तुका
कवितांची जखम
तुजे खातीर जाय
एक अप्रूप वाट
जी वाट
तुजीं नंकसूद पावलां
आपल्या काळजार झेलतात...

वाट १६

नागिणीक लेगीत मत्सर दिसचो
अशी तुजी चाल झेलपी ती वाट
सोरपान कात सोडची
तशी आयज शेकानशेक पडून आसा
आनी कालिया मर्दन करपी
म्हजीं त्या काळावेळीं पावलां
आयज भंयान थतर वितर
ते कातीच्या डंखान ....

वाट १७

तुजे वाटेक
लागिल्ले दोळे
आतां लागल्यात
पयले वाटे
तरी अजून
काळीज सांगता
तूं येंवचें आसा
म्हजे भेटे
तेच वाटेन....

वाट १८

कोणे विद्‌वाट्यान
ध्वनीफित तोडून वाऱ्यार सोडची
तशी तुजी ही वाट
म्हज्या दोळ्यां सामकार
शेकानशेक वळवळत पातळ्ळ्या
तिचेर रिकॉर्ड जाल्लीं
केन्नाचीं तरी तीं गीतां
आयज जाल्यांत जायत भायरीं रसिकांक
पूण ते वाटेवेल्यान चलतना
म्हज्या पावलांची जाता सूय
मनाचीं जातात फुनेलां
आनी वाजूंक लागतात
वाटेवेलीं गीतां
जीं केन्नातरी आमी रिकॉर्ड केल्लीं
तेन्ना मात ही वाट
सरून सरना
तुटिल्ली ध्वनी फीत
सोंपून सोंपना...

वाट १९

म्हजे जिणेतले वाटेवेलें
तूं एक दवरणें
काळजांतल्या दुख्खांचें वजें
आपल्या आंगार घेवन
थाकाय दिवपी
फुडले वाटेक

वाट २०

खरें म्हळ्यार
वाट
तूं चुकलें
पूण ताचें खापर
म्हजेर फोडलें
म्हजी वाट
तयार आशिल्ली
पूण तुजें चलपूच
उरफाट्या पावलांनी जालें
ताका हांव कितें करूं?
कर्म म्हजें !
इतलेंच खरें ....!

वाट २१

तुजे वाटेक
फाट करूं म्हणटा?
जंय फाट करतां
थंयच्यानूच तुजी
वाट दिसता....

वाट २२

हालींच
तुका पळयिल्लें
म्हजे वाटेवयलीं
फुलां वेंचतना
तरी बरें
आदीं फुडेंच
म्हज्या तळव्यांनी
एकानएक
वेंचिल्लो काटो....

वाट २३

तूं
फाट करून
वाट
कवळीत गेलें
वतना
म्हजो प्राण
घट
आवळीत गेलें....

वाट २४

एके तिनसांजचे कातरेर
म्हजे मांडयेर
तकली दवरून तुवें
म्हजे आदीं
वयले वाटेक लायले दोळे
सगळ्योच वाटो
आपल्योच म्हणपी
तूं असलें कसलें सुवार्थी
म्हाका
उडोवन वचपी
एकटुके वाटेर...!

वाट २५

म्हज्या
घराचे वण्टीक
जनेलाचें
एक चित्र हुमकळटा
तातूंत
तुजी वाट
कोणेतरी चितारल्या...
दिसानदीस
वण्टींचो रंग झडत वता
तुजी वाट मात
ठळक जायत रावता....

वाट २६

तुजी
वाट पळोवप
ही म्हजे पासत
सदचीच गजाल
तातूंत
नविदाद ती कसली?
तुवें
म्हजी वाट सोडली
हिंवूय तशी
पोरणीच गजाल
पूण
हालींसराक
एक नविदाद घडटा
तुजे यादीन
आमची सदची वाट
कित्याक कोण जाणां
दिसान दीस
भागत चल्ल्या....!

वाट २७

तुजी वाट
पळयतां पळयतां
खंयतरी
म्हजी वाट शेणली
म्हजी वाट
सोदतां सोदतां
तुजे वाटेक
म्हजी वाट दोडली
आतां
म्हजी वाट खंयची?
तूंच जाणां....

वाट २८

सगळी वाट
कवळून
खाक्याक मारून
वचपाचीं
शाणेपणां तुवें केलीं
पूण....
ती सांबाळून
दवरपाचीं
पिशेपणांय थोडीं करपाचीं
निदान
केन्नातरी गरज पडपाची
म्हजेकडेन येवंक
शेकानशेक सोडयत

वाट २९

दनपारच्या
वताकडार
उकत्या पावलांनी
तुवें वाट चलप
आनी तुजे प्रतिक्षेत
वाटेक दोळे लावन
हांवें
गुलाम अलीची
गजल आयकप
आतां सांजवेळेर
न्हिविल्ली ती वाट तेळटना
गजाल येवजता
आनी
गजल मात
काळीज ल्हासयत वता

Foundation (R.)

वाट ३०

ही वाट
चलता
काय चलयता....

ही वाट
चालू....
आमकां चलोवन
अचल ....
पडून रावपी
कोणां पासत तरी
चलपा खातीर....

वाट ३१

तूं येवपाचें ना
हें खबर आसूनय
हांवें वाट पळयली
हांव वाट पळयतां
हें खबर आसूनय
तुवें फाट वळयली
हांवें वाट पळोवप
तुवें फाट वळोवप
मदले मदीं वाटेक मात
आमी एकटी उडयली...!

वाट ३२

हे तुजे
ओंठ
न्हय
ती वाट
उतरांक
चलपाची...!

वाट ३३

म्हज्या
शिरंत्रांच्यो जाल्यात
लांबदीक वाटो
तरी
एकमेकांत घुरपल्ल्यो
आनी
त्या वाटांतल्यान
तुजें
तें आंगभर धांवप
केन्ना
ल्हवपीक पावलांनी
तर केन्नां
मस्तखोर ल्हारांनी
खरेंच
तुका झेलता सर
म्हजे वाटेक
हांवच पेलना...

वाट ३४

हे वाटेर
पावलां
सांबाळून उडय
ही वाट
मातयेची
म्हज्या काळजाची
आता
माती जाल्या
आनी
जालां मन
फातर

वाट ३५

म्हजे वाटेक
वचूं नाका
सैरभैर जावन अशें
नाचूं नाका

म्हजी वाट
मोलूं नाका
दिगंताचो प्रवास म्हजो
तोलूं नाका

वाट म्हजी
मळूं नाका
दनपारच्या कडार अशें
जळूं नाका

वाट ३६

अर्द वाटेर
सोडून गेलो
होच तुगेलो
शीण
वाट
अर्द नासता
हेंच वाटेचें
रीण

वाट ३७

आनीक आनी
वाट पळोवप ना
आनी वाटेचेय वाटेक
आतां वचप ना
म्हूण हांवें वाट कवळ्ळी
आनी तिका गुठलायली
काळजाच्या एका कप्प्यांत
सुगूर करून दवरली
आतां वाटूच म्हजी
वाट पळयता
काळजांतली वाट
खिणा खिणाक उसयता

वाट ३८

वाटेर कांटे आसतात
हें हांवें अणभवलें
वाटेक कांटे तोंपतात
हें मात खबर नासलें
हालींच तिका हांवें पळयल्या
रक्तबंबाळ जाल्ली
म्हज्या पायांत कांटे तोंपतना

कविता

सिगारावेल्यो

तुवें दिल्लें
दर एक चुंबन
आयज
शिगार जावन
म्हजे
वोंठ जळयतात

एक चंचळ नार
तर्शेच हें शिंगार
ताच्या पांयांक ना थार
सतत दादल्यांच्या वोंठार
      हाडून तांचेर सांवार
      अजून शिंगार आंकवार

नाकात दवरूं तुळशीपत्र
निमणे वेळार म्हज्या वोंठार
नाकाच नाका गंगाजळ
पुरो फक्त सिंगार

म्हज्या मड्या फाटल्यान
चलप्यांनो, मतींत धरात
राम नाम नाका वोंठार
म्हणात फक्त सिंगार सिंगार

ह्या जिविताच्या
गुडूप्प काळ्या कुट्ट
काळखांतल्यान
हांव चलत आसां, एकटोच
उजवाडाक चूड नाका
चान्नें नाका
नखेत्रांचो नाका सांगात
पुरो म्हाका
सिगाराचो सानुलो उजवाड
आनी
ताजोच मायेचो सांगात

‘रोयता तें पिकता’
म्हणून हांवें सिगार रोयलें
आनी कितें सांगू अजाप
झाड सिगारान भरलें...!

अमृता
दिल्लीच्या हौजखासातलो
के - २५ हो तुजो चित्रमहाल
महालभर दरवळपी तो
चेस्टरफिल्डचो वास
आनी तुवें म्हणिल्ली कविता
'एक वेदना आशिल्ली...
जी सिगरेटी वरी हांव मोन्यानी पियेलीं
फकत कांय आसात गीतां
जीं सिगरेटीच्या गोबरावरीं हांवें फाफुडलीं'
आयज थंयच्यान पासार जातना
कवितेचें फिल्डु उजाड दिसता
आनी चेस्ट मात भरून रावता
सिगरेटीच्या धुंवराविणे

हांव सिगार पेटयतां
जशें चितेक लावची आग
दम भितर घेतां
शिरंतरांक येवची म्हण जाग

सिगार जळटा ल्हासयत तंबाखू
करता आपलोच गोबोर
हांवूय जळटां खिणाखिणांक
सोडीत विचारांचो धुंवर

सिगार कितें मनीस कितें
दोगांयचोय एक दीस धुंवर
एक हाडटा सांवार जाल्यार
दुसऱ्याक फुट्टा चंवर

म्हाजें पिंवळा हत्ती
तुवें ओडप
आनी तुजें फाय फाय
हांयें ओडप
हेका ळोकशाय म्हुणटा
आनी तुजें फाय फाय
तुयेंच ओडप
आनी म्हाजो पिंवळा हत्ती
हांयेंच ओडप
हेका डेमोक्रसी म्हुणटा
अशें सांगपी तूं
एकदीस आमदार जावन
विधानसभेंत पावलो
तेन्ना खऱ्यानीच सांगतां
म्हजे सिगरेटीचो धुंवर
हाय हाय म्हणत रावलो

सिगाराची करून पुंगी
दिसरात हांव वाजयतां
धुंवरांचे लाख सोरोप
हवेंत हांव नाचयतां

एक सोरोप घालता फोसां
फणां काडून म्हणटा म्हाका
जिवीत म्हळ्यार धुंवर मरे
अर्थहीण हीं भाटां बेसां

दुसरो सोरोप धोलता हवेंत
हळूच म्हाका घेता कवेंत
विरतां विरतां म्हणटा कसो
सुखम जिवेत कृतम जिवेत

सोरोप जरी हे धुंवराचे
ते सिगाराच्याच कुळाचे
धुंवर जावन नाचले जरी
अळंग वीख पेरपाचे

5622
P/Kon
Konkani Language & Cultural Foundation (R) * Mangalore

सिगरेट हांव ओडटां
धुंवर तुज्या नाखांतल्यान
सिगरेट हांव सोडटां
खोस तुज्या दोळ्यांतल्यान
कसलें बाये हें नातें
सिगरेट आनी फिल्टराचें

कोणाच्या तरी मेथये पावलार
मन म्हजें रंगलां
रेवेंतल्या पावलां खुणांत
चित्त खोल रोंबलां

- दिलीप बोरकार

बिम्ब
प्रकाशन